**<u>इंडियन रिसॉर्ट हॉटेल्स ली. वांगडाचो करार रद्द</u>**

ता. 3 नोव्हेंबर 2021

गोंय सरकारान इंडियन रिसॉर्ट हॉटेल्स ली. ( आताचे नाव मे. द इंडियन हॉटेल्स कंपनी लिमिटेड ) वांगडा 19 जून 1997 वर्सा केल्लो भाडे करार सरकारान रद्द केला आनी आदेश जारी जाल्ल्याच्या तारखेसावन स म्हयन्यासावन टरमिनेशन लागू जातलें.

पर्यटन खात्यान पर्यटकांक मनरिजवण आनी करमणूक सुविधां दिवपाखातीर बार्देस तालुक्यातल्या सिकेरीच्या आग्वाद पठाराचेर 53.02 लाख खर्चून 313630 चौ. मी. जमीन संपादन केल्ली. तांतूतली 3 लाख चौ. मी. सुवात 50 वर्सांच्या भाडेपट्टीचेर इंडियन रिसॉर्ट हॉटेल्स लिमिटेडाक आंतरराष्ट्रीय दर्जाच्यो मनरिजवण आनी करमणूक सुविधां निर्माण करपाक दिल्ली आनी 1 जुलय 1998 सावन सरकाराक म्हयन्याक 1 कोटी भाडे दिवपाचो करार केल्लो. पुण कंपनीन 1 जुलय 1998 सावन सरकाराक भाडे फारीक करूक ना. सरकारान कंपनीक भाडे फारीक करपा संबंदी नोटिस धाडून लेगीत आयज मेरेन भाडे फारीक करूक ना.

भाडे करार रद्द केल्ल्याच्या आदेशात इंडियन रिसॉर्ट हॉटेल्स ली. कंपनीक आदेश जारी केल्ल्या तारखेसावनच्या स म्हयन्याच्या काळाभितर सदर जागेचो ताबो सरकाराकडेन दिवपाचो आनी आदेशाच्या 30 दिसाच्या काळाभितर भाड्याची थकबाकी आनी व्याजासयत 65,02,47,123/- ( पासस्ट कोटी दोन लाख सत्तेचाळीस हजार एकशे तेवीस रूपया ) फारीक करपाचो आदेश दिला. कंपनीन ह्या आदेशाप्रमाण भाड्याचे पयशें फारीक केले ना आनी जमनीचो ताबो दिलो ना जाल्यार उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्याक जागेचो ताबो घेवपाचो आदेश दिला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/918

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji